**राज्यपाल 10 ऑक्टोबराक सांतआंद्रे, ताळगांव मतदासंघात भेट**

ता. 4 ऑक्टोबर 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई ता. 10 ऑक्टोबर 2022 दिसा तिसवाडी तालुक्यातल्या सांतआंद्रे आनी ताळगांव मतदासंघात भेट दितले.

सकाळच्या सत्रात ते भाटी पंचायत सभाघरांत कुडका-बांबोळी, भाटी, गोवा वेल्हा, सेंट. लॉरेन्स, आजोशी-मंडूर, नेवरा, शिरदोण-पाळे ग्रामपंचायतींचे सरपंच आनी पंचाकडेन संवाद साधतले. तशेंच ते पिलार सेमिनारी, फा. आग्नेल चर्च आनी सांतान कुडकाच्या सेंट. आंद्रे चर्चीक भेट दितले.

उपरांत सांजेच्या सत्रात ते ताळगांव पंचायत सभाघरांत सरपंच आनी पंचाकडेन संवाद साधतले.

ते आपल्या भेटीत डायलिसीस आनी कॅन्सर दुयेंतींक अर्थिक मदत भेटयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/612

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji